## गोंय विद्यापीठान संशोधन सहाय्यक पदांखातीर अर्ज मागयल्यात

ता. 16 जानेवारी 2025

गोंय विद्यापीठान ICSSR-पुरस्कृत " "Soulful Journeys: Integrating Therapeutic Indigenous Cuisines, Wellness Programs, and Philosophical Counselling for Sustainable and Holistic Tourism in Goa,s Hinterland – A Vision for Developed India 2047" ह्या विशया वयल्या संशोधन प्रकल्पाचेर काम करपाक एका संशोधन सहाय्यक पदाच्या सुवाते खातीर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात.

उमेदवारा कडेन तत्वगिन्यानांत पीएच.डी आनी एम.ए वा कमीत कमी 55 टक्के गुणांसयत खंयच्याय समाजशास्त्रातली पदव्युत्तर वा कमीत कमी 55 टक्के गुणांसयत खंयच्याय आयुर्वेद वा व्हेलनेस टुरिजमात मास्टर्स पात्रताय आसपाक जाय. म्हयन्याक 37,000/- रूपया शिश्यवृत्ती पालव दितले.

मुलाखत 24 जानेवारी 2025 दिसा सांजेच्या 3.00 वरांचेर संस्कृत तत्वज्ञान विभाग, गोंय विद्यापीठ हांगा जातली. इत्सूक आनी पात्र उमेदवारांनी आपलो सीव्ही, पीएच.डी. दाखलो आनी हेर पदवी दाखलें, पीएच.डी कामाचो चाप्टर वा हेर खंयचेय प्रकाशीत संशोधन काम आनी संशोधन आनी कामाच्या अणभवाचो दाखलो वांगडा हाडचो. तशेंच इत्सूक आनी पात्र उमेदवारांनी आपलो अर्ज पीडीएफ फॉर्मेटात मुखेल तत्वज्ञान अभ्यासक डॉ. वॉल्टर मिनेझिस, संस्कृत तत्वज्ञान विभाग हांका 20 जानेवारी 2025 मेरेन email: menezes@unigoa.ac.in चेर ऑनलायन धाडचो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/52

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.